Panaji National 8th April 2026 8.40am

अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हाणी इराण बरोबर दोन आठवड्यांच्या युद्धविरामाची घोषणा केली; इराणान होर्मुझांतल्यान सुरक्षीत येरादारीक परवानगी दिल्या.

युद्धविरामाची घोषणा केल्या उपरांत संवसारीक तेलाचे दर व्हड प्रमाणांत उणे जाल्यात.

आसाम, केरळम आनी पुडुचेरीं विधानसभा वेंचणुके खातीरचो प्रचार काल सोंपलो; फाल्या मतदान जातले.

भारतीय रिझर्व्ह बँक आयज वित्तीय वर्सा 2026-27 खातीर आपलें पयलें द्विमासिक चलन धोरण जाहीर करतली.

IPL सर्तीतली १४ वि मॅच, आज दिल्लीत दिल्ली कॅपिटल्स आनी गुजरात टायटन्स हांचे मदीं जातली.

USA Iran

अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रंप हाणी सांगला, जर होर्मूझच्या सामुद्रधुनींतल्यान जहाजांक येरादारी करपाक परवानगी दिली जाल्यार, अमेरिका आनी इराण मदल्या दोन सप्तकांच्या प्रस्तावित झुझबंदीक ते सहमत आसा. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत ट्रम्प हांणी दोनूय पक्षांनी द्विपक्षीय युद्धविराम करपाक मान्यताय दिवची अशें स्पश्ट केलां. ताणें असो दावो केला की अमेरिकेन आपले लश्करी हेतु साध्य केल्यात आनी हो संघर्ष आता सोपपाच्या मार्गार आसूं येता.

हाच्या पयलीं, ट्रंपान इराणक शिटकावणी दिल्ली की जर तेहरानान ताच्यो मागण्या मान्य केल्यो ना जाल्यार, तातूंत होर्मुझची सामुद्रधुनी परत उगडपाचो आस्पाव आसा,

जाल्यार वीज प्रकल्प आनी पूल सारकिल्या म्हत्वाच्या मुळाव्या साधनसुविधांचेर हल्लो करूं शकता.
दुसरे वटेन, इराणचो परराष्ट्र मंत्री अब्बास अराघची हाणेंय जाहीर केलां की जर इराणचेर जावपी हल्ले थांबयले जाल्यार इराण झुझबंदीक तयार आसा. ताणें म्हळें की दोन सप्तकां खातीर, इराणच्या सशस्त्र दळांच्या समन्वयान आनी तांत्रिक मर्यादेंचेर विचार करून, होर्मूझच्या सामुद्रधुनीतल्यान सुरक्षित वचपाक मेळटलें.
अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी दोन आठवड्यांच्या सशर्त युद्धविरामाची घोषणा केल्या उपरांत संवसारीक तेलाचे दर व्हड प्रमाणांत उणे जाल्यात.
Govt. LPG – 165
देशभरांत पेट्रोल, डिझेल, एलपीजी आनी पीएनजी हांची पुरवण सुरळीत आसा अशें सरकारान सांगलां. अस्तंत आशियांतल्या ताज्या घडामोडीं विशीं काल नवी दिल्लींत जाल्ले आंतर मंत्रालयीन पत्रकार परिशदेंत म्हायती दितना पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयाची संयुक्त सचीव सुजाता शर्मा हांणी सांगलें, खंयच्याच एलपीजी वितरकांकडेन पुरवणेत उणाव जाल्ल्याची म्हायती मेळूंक ना.सगळे पेट्रोल पंप सुरळीतपणान चालू आसून थंय पेट्रोल आनी डिझेल पुरोश्या प्रमाणांत उपलब्ध आसा आनी खंयच उणाव निर्माण जावंक ना, हें तांणी स्पश्ट केलें.
एलपीजी सिलिंडरची डिलिव्हरी लेगीत वेवस्थित चालू आसा आनी ऑनलाईन एलपीजी बुकींग सुमार ९६ टक्क्यांमेरेन वाढलां अशें शर्मा हाणीं सांगलें की. ५ किलाच्या सिलिंडराची विक्री वाढोवपाखातीर सरकारान ताची विक्री दुप्पट करपाचो नवो जारी केला, अशेंय तांणी नमूद केलें. फेब्रुवारींत ५ किलोच्या सिलिंडराची सरासरी विक्री दिसाक ७७ हजार आशिल्ली, ती आतां दिसाक सुमार एक लाखाचेर पावल्या. २३ मार्च सावन सुमार ७ लाख ८० हजार ५ किलोचे 'फ्री ट्रेड' एलपीजी सिलिंडर विकल्यात, अशी माहिती तांणी दिली.
अस्तंत आशिया वाठारांतले सगळे भारतीय खलाशी सुरक्षीत आसात अशें बंदर, जहाज आनी उदकामार्ग मंत्रालयाचे अतिरिक्त सचीव मुकेश मंगल हांणी सांगलें.
Elections – 40

आसाम, केरळम आनी पुडुचेरीं विधानसभा वेंचणुके खातीरचो प्रचार काल सोंपलो.आसामच्या सगळ्या १२६, केरळच्या १४० आनी पुदुचेरीच्या ३० विधानसभा मतदारसंघांखातीर ९ एप्रिलाक एकाच टप्प्यांत मतदान जातलें.

मुक्त, निष्पक्ष आनी शांततायेन मतदान जावंचें म्हूण अधिकाऱ्यांनी सुरक्षा आनी प्रशासकीय उपाययोजना कडक केल्यात.

Congress Bengal

काँग्रेस पक्षान काल अस्तंत बंगाल विधानसभा वेचणुकांखातीर आपलो जाहीरनामो अधिकृतपणान जारी केलो. कोलकात्यांत जाल्ल्या एका पत्रकार परिशदेंत काँग्रेसीचे अध्यक्ष मल्लिकार्जुन खर्गे हांणी ह्या दस्तावेजाचें अनावरण करून सांगलें, राज्या खातीर उदरगतीची दूरदृष्टी आनी गती हातूंतल्यान दिसून येता.पक्षांन दिल्ल्या मुखेल आश्वासनां मदि बायलांक म्हयन्याक दोन हजार रुपयांची मदत आनी शेतकारांक १५ हजार रुपयांचो अर्थीक आदार हांचो आस्पाव आसा. राज्याची अर्थीक पुनर्रचना करप हो आमचो सगळ्यांत म्हत्वाचो उद्देश आसा, अशें खर्गे हांणी सांगलें.

NHRC

राष्ट्रीय मानवाधिकार आयोगान (एनएचआरसी) काल नवी दिल्लीत आपल्या 'मानवाधिकार लघुपट सर्त २०२५'च्या सात विजेत्याचो सत्कार करपाखातीर एक सुवाळो आयोजित केल्लो. ह्या वेळार उपस्थितांक संबोधीत करतना, NHRC चे अध्यक्ष न्यायमूर्ती व्ही. रामसुब्रमण्यन हांणी विजेत्याचें अभिनंदन केलें आनी तांच्या चित्रपट निर्मितीच्या आवडीची तोखणाय केली.

RBI

भारतीय रिझर्व्ह बँक (RBI) आयज आपलें द्विमासिक चलन धोरण जाहीर करतली.रिझर्व्ह बँकेचो गव्हर्नर संजय मल्होत्रा आज सकाळीं १० वरांचेर, आर्थिक वर्स २०२६-२७ च्या आपल्या पयले बसकेत चलनविषयक धोरण समितीन (MPC) घेतिल्ले निर्णय जाहीर करतलो. रिझर्व्ह बँक गव्हर्नराच्या फुडारपणाखाल, स वांगड्यांची ही

समिती सोमारा सावन व्याज दर, महागाईचो अदमास आनी आर्थिक वाढीचे अंदाज यांसारख्या महत्त्वाच्या बाबींचेर विचारविनिमय केलो.

TRAI
भारतीय दूरसंचार नियामक प्राधिकरणान (TRAI) काल 'दूरसंचार ग्राहक संरक्षण (तेरावी दुरुस्ती) नियमन, २०२६' चो मसुदो जारी केलो. TRAI-न सांगलें, तांणी हाचे पयलीं 'दूरसंचार ग्राहक संरक्षण (बारावी दुरुस्ती) नियमन, २०२४' जारी केल्लें, ज्या वरवीं दर एका दूरसंचार सेवा पुरवणदाराक फक्त Voice आनी SMS खातीर उण्यांत उणो एक 'स्पेशल टॅरिफ वाउचर' (STV) दिवप सक्तीचें केल्लें. उपरांत अशें दिसून आयलें की फक्त Voice आनी SMS खातीर फक्त काय स्पेशल टॅरिफ वाउचर्स दितात. TRAI-न मुखार सांगलें, ते उपरांत उण्या काळावधीचे फक्त 'व्हॉइस' आनी 'एसएमएस' पॅक आसचे अशी मागणी करणारीं जायतीं निवेदनां तांकां मेळ्ळयांत. हो मसुदो ट्रायच्या संकेतथळार आसा. ह्या म्हयन्याच्या 28 तारखे मेरेन भागधारकांनी आपल्या लेखी प्रतिक्रिया ह्या म्हयन्याच्या २८ तारखे मेरेन सादर करच्यो अशी विनंती केल्या.

Chauhan
अन्न सुरक्षा सुनिश्चीत करप आनी शेतकारांचें उत्पन्न वाडोवप हें सरकाराचें मुखेल प्राधान्य आसा अशें कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलां. ते काल जयपूरांत जाल्ले प्रादेशिक शेती परिशदेंत उलयताले.

Birla Goa
लोकसभेचे अध्यक्ष ओम बिर्ला ह्या म्हयन्याच्या ९ तारखेक गोंय पणजी, हांगा राष्ट्रकुल संसदीय संघाच्या (CPA) भारत क्षेत्रांतल्या 'झोन-७' च्या पयल्या परिशदेचें उक्तावण करतले.

आंध्र प्रदेश, छत्तीसगड, हरियाणा, कर्नाटक, राजस्थान आणि तेलंगणा या राज्यांच्या विधिमंडळांच्या पीठासीन अधिकाऱ्यांव्यतिरिक्त गोयांतले केंद्रीय मंत्री, गोयांतले संसद वांगडी आणि तीन वांगडी राज्यांचे विधिमंडळ वांगडी या परिषदेक हजर रावतले.

दोन दिसांच्या ह्या परिशदेत, '२०४७ मेरेन विकसित भारताचें ध्येय साध्य करपाक तरणाट्या लोकप्रतिनिधींची भूमिका' आनी 'वेपार, पर्यटन, शारीकरण, पर्यावरण आनी सागरी संपर्क यंत्रणात झोन सात ची प्राधान्यन्या' ह्या विशयांचेर मानेस्त चर्चा करतले. संसदीय सहकार्य घटमूट करप, उत्तम कार्यपद्धतींचे आदान-प्रदान करप आनी ह्या क्षेत्राच्या मुखेल उदरगतीच्या प्राधान्यांचेर विचारविनिमय करप हो हे परिशदेचो हेत आसा. CPA भारत विभाग सातांत गोंय, गुजरात आनी महाराष्ट्र विधानसभांचो आस्पाव जाता.2024 वर्सा CPA भारत क्षेत्राची णव झोनांनी पुनर्रचना जाले उपरांत ही झोन-सात ची पयली परिशद आसतली. सध्या गुजरात विधानसभेचे अध्यक्ष हे सीपीए भारत क्षेत्र विभाग -सात चे अध्यक्ष म्हणून कार्यरत आसा.

IMD

भारतीय हवामान खात्यान (IMD) आसाम, मेघालय आनी अरुणाचल प्रदेशांत बिरेस्तारा मेरेन उटनगराचो पावस पडपाचो अदमास उकतायला. हवामान खात्यानं आज बिहार, झारखंड आनी सिक्किमांत गडगडाटी संयत नेटान वारे मारपाची शक्यताय उक्त्याला.

Boxing

मंगोलियांतल्या उलानबातार हांगा चालू आशिल्ल्या Asian बॉक्सिंग चॅम्पियनशिप २०२६ त भारताची जबरदस्त कामगिरी सुरूच आसा. भारताच्या स बायलो आनी दोन दादले अशा वट्ट आठ बॉक्सरांनी फायनलींत पावल घाले. काल जाल्ल्या बायलांच्या सेमीफायनलींत मिनाक्षी आनी जॅस्मिन हांणी आघाडी घेतली, जाल्यार दादल्यांच्या गटांत विश्वनाथ सुरेश आनी सचिन हांणी बरे प्रदर्शन करून फायनलींत सुवात मेळयली.

IPL

आयपीएल क्रिकेटांत (IPL Cricket), काल राती गुवाहाटीच्या बरसापारा क्रिकेट स्टेडियमचेर जाल्ल्या खेळांत राजस्थान रॉयल्सान मुंबई इंडियन्सक २७ धांवड्यांनी हारयलें. पावसाकी लागून खेळाक सुमार अडेच वरांचो उशीर जालो, आनी ताका लागून हो खेळ ११ ओव्हरिंचो केलो.

आज या सर्तीतली १४ वि मॅच, दिल्लीच्या अरुण जेटली स्टेडियमाचेर दिल्ली कॅपिटल्स आनी गुजरात टायटन्स हांचे मदीं जातली. हो खेळ सांजवेळा ७:३० वरांचेर सुरू जातलो.